**मडगावां जिल्हा पांवड्याचेर प्रजासत्ताक दीस सुवाळो जालो**

ता. 26
जानेवारी 2022

मडगांवच्या माथानी साल्दाना प्रशासकीय प्रकल्पात आयोजीत जिल्हा पावंड्यावयल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती रूचीका कात्याल हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दिली.

सुवाळ्यात उलयताना श्रीमती रूचीका कात्याल हांणी गोंयच्या लोकांक प्रजासत्ताक दिसाची परबीं भेटोवन देशाखातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या म्हान फुडाऱ्यांचो उगडास करपाचो हो दीस आशिल्ल्याचे म्हणलें.

भारत हो व्हड लोकशाय देश. देशाच्या उदरगती खातीर प्रत्येक नागरिकान योगदान दिवपाची गरज आसा. तशेंच देशाची एकजूट आनी भावपण सांबाळून दवरपाचीय गरज आसा. आमच्या संविधानान आमकां अनेक दिवपा वांगडाच जापसालदारकीय दिल्या. आमी आमच्या कर्तव्यांचे पालन करून देशाच्या विकासाक हातभार लावपाक जाय. संविधानान आमकां मतदानाचो अधिकार दिल्लो आसा. येणाऱ्या वेंचणूकेंत मतदारांनी आपलो हक्क बजावन आपले कर्तव्य पार पाडचे. प्रत्येक नागरिकान देशाच्या संविधानाचो आदर करपाक जाय, अशेंय श्रीमती रूचीका कात्याल हांणी म्हणलें.

जिल्हाधिकारी श्रीमती रूचीका कात्याल हांका सुवाळ्याच्या थळार पुलीस अधिक्षक अभिषेक धानिया हांणी येवकार दिलो.

सुवाळ्याक आदले आमदार चर्चिल आलेमाव, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी सुरेंद्र नाईक, संजीत रॉड्रिग्स, उप जिल्हाधिकारी श्रीमती ज्योती कुमारी, प्रसाद वळवईकर, स्वातंत्र्य सैनिक आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/75

-

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji